19 April 2025 सकाळी - 7.25

## आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा

**मुखेलमंत्री फेलोशिप -**

मुखेलमंत्री फेलोशिप येवजणेक ३१ मे २०२७ मेरेन दोन वर्साची मुजतवाड दिल्या. हे विंशी सरकारान अधिसुचोवणी जारी केल्या. ह्या फेलोशिप येवजणेवरवी तरणाट्या वेवसायिकांक प्रशासकीय कामाची म्हायती मेळची म्हण ११ म्हयन्याक नेमतात, जाल्यार तांका ३० हजार रुपया इतके म्हयनुकी मानधन, ह्या काळात दितात. १९ मे २०२१ वर्सा सराकरान ही येवजण चालीक लायल्या. ह्या येवजणेवरवी दर वर्सा, १० पात्र उमेदवारांची निवड जाता. जाल्यार, ह्या उमेदवारांक गोंय सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खाते वेगवेगळ्या सरकरी खात्यानी कामाक नेमता. २१ ते २७ वर्सा पिरायेच्या पदव्युत्त पदवीधारक तरणाट्यांक, ह्या येवजणेवरवी प्राधान्य दितात.

**येरादारी म्हामंडळान -**

कदंब येरादारी म्हामंडळान बंगळुरू, शिर्डी, हौदराबाद, मुंबय, धर्मस्थळ आनी हम्पी मार्गार, दिसपट्टी नवीन एअर कंडिशन आनी आरामदायी आंतरराज्य बस सेवा सुरू केल्या. म्हापशें ते बंगळुरू एसी स्लिपर बस म्हापशेंच्यान सांजेच्या 5.30 वरांचेर सुटून पणजी, मडगांव, फोंडा, अनमोड, धारवाड, हुबळीच्यान बंगळुरू पावतली. मडगांव ते पुणे-शिर्डी एसी स्लिपर बस मडगांवच्यान सांजेच्या 5.00 वराचेर सुटून पणजी, म्हापशें, बांदा, पुणेच्यान शिर्डी पावतली. म्हामंडळा वतीन गोंय- मुंबय, धर्मस्थळ आनी हम्पी मार्गार, बस सेवा सुरू करपात येतली. चड म्हायती आनी ऑफलायन तिकेट बुकिंगे खातीर, म्हामंडळाच्या www.goakadamba.com or www.redbus.in ह्या वेबसायटीचभेट दिवची. तशेंच म्हामंडळाच्या लागीच्या कार्यालयांत भेट दिवची.

**भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण**

भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण गोंय फाट्यावतीन WORLD HERITAGE DAY च्या फांटभुयेंर आयज पोरण्या गोंया सेंट AUGUSTIN CHURCH वाठारात DIGITAL HERITAGE WALK चे ही सेवा चालीक लायल्या. सेंट AUGUSTIN tower विशी, इतिहासिक तशेंच पुरातत्व महत्व-वीशी आशिल्ली म्हायती हांगा येवपी पर्यटकांक, तशेंच इतीहास मोग्यांक मेळची ह्या हेतान, हो उपक्रम चालीक लायला, अशी म्हायती भारतीय पुरातत्व खात्याचे supretending archiologist अभिजीत आंबेकर हांणी दिली. ह्या उपक्रमावरवी QR code scan करून, ईतीहासीक थळांची आपल्याक जाय त्या भाशेन, म्हायती मेळटली.

**गोंय माध्यमीक शिक्षण**

गोंय माध्यमीक शिक्षण मंडळान १२वेच्या पुरवणी परिक्षेचें अंतीम वेळापत्रक जाहीर केलां. ही परिक्षा उत्तर आनी दक्षिण गोंय अशा दोन केंद्रांनी जातली. उत्तर गोंयांतलें म्हापसा केंद्र पुरुषोत्तम वालावालकर उच्च माध्यमीक शाळेंत आसतलें, जाल्यार दक्षिण गोंयांतलें मडगांव परिक्षा केंद्र शासकीय बहुउद्देशीय उच्च माध्यमीक शाळा मंडळ, बोर्डा मडगांवांत आसतलें. ७ मे सावन पुरवणी परिक्षा सुरू जातली. विज्ञान, कला आनी वाणिज्य शाखेची परिक्षा १७ मेक सोंपता, जाल्यार वेवसायीक शाखेची परिक्षा १२ मेक सोंपतली अशी म्हायती गोंय शिक्षण मंडळाचे सचीव विद्यादत्त नायक हांणी दिल्या. विज्ञान फाट्यांची प्रात्यक्षिक परिक्षा १९ मे सावन सुरू जातली, अशी म्हायती शालांत मंडळान दिल्या.

**GOA FIRE RUN (Byte)**

GOA FIRE RUN 2025च्या फांटभुयेंर, गोंय उजो पालोवपी दळान मेरोथोनाचे खाशेले टी- शर्टाचे तशेंच मॅडलाचे अनावरण केला. गोंय उजो पालोवपी दळ आनी पर्वरेची रोटरी क्लबाच्या जोडपालवान, 20 एप्रीलाक सकाळी 6:30 वराचेंर, मेराथोनाचे आयोजन केला. घटमुट भलायकी आनी फायर सेफ्टी विंशी जागृताय करपाच्या हेतान 'unite to ignite fire safe india' ह्या संकल्पनेवरवी ह्या मेरोथोनाचे आयोजन केला, अशी म्हायती गोंय उजो पालोवपी दळाचे संचालक

नितीव रायकर हांणी दिल्या. 2 आनी 5 कीलो मीटर अंतराचेर पणजे सांत इनेज उजो पालोवपी दळाच्या कार्यालयाकडल्यान, मेराथाॅन सर्त सुरू जातली.ह्या मेरोथाॅन रनात 250 जाण वाटो घेतले.

**(Byte)**

**सीआयसी -**

याचिकादाराक म्हायती दिवपाक कळाव केल्ल्यान ताचो वेळ, शक्त आनी पयशेय खर्च जाले. हाची भरपाय म्हणून मागिल्ली म्हायती दिवपा वांगडा, १० हजार रूपयांची लुकसाण भरपाय याचिकादाराक दिवपाचो आदेश, मुखेल म्हायती आयुक्त अरविंदकुमार नायर हांणी, वास्तुशिल्पकला महाविद्यालयाक दिलो. ह्या आदेशाक लागून याचिकादार रॉय डिसोझा हांकां थाकाय मेळ्ळी.

आयटीआय - राज्यातल्या आयटीआय मदी प्रवेशाची प्रक्रीया ऑनलायन पद्दतीन जातली. प्रवेश अर्ज घेवपाक सुरवात जाल्या आनी 5 मे ही अर्ज करपाची निमणी तारीख आसा. राज्यातल्या सरकारी आनी खासगी मेळोन, 13 आयटीआयमदी 42 ट्रेडीनी 4,078 जागो आसा.

क्रिकेट आयपीएल -

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं, एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर पावसाक लागून जाल्ल्या 14 ओव्हरींनी, पंजाब किंग्सान, यजमान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूक, 5 विकेटींनी हारयलो. मजगती, आयज आयपीएलात दोन मॅची जातल्यो. दनपारां 3:30 वरांचेर अहमदाबादांत, गुजरात टायटन्स पंगड दिल्ली कॅपिटल्स आड खेळतलो. जाल्यार, सांजे 7:30 वरांचेर जयपूरांत राजस्थान रॉयल्स आनी लखनौ सुपर जायंटस पंगडामदी खेळ जातलो.

तापमान - 80

पळोवया आयचे तापमान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, पणजेत चडात चड 35 अंश सेल्सियस जाल्यार, दाबोळे कमीत कमी 26 अंश सेल्सियस इतले तापमान नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस तापमान, २६ ते ३५ अंश सेल्सियस मेरेन आसतले. काय वाठरांनी दमट, उष्ण वातावरण आसू येता.

**आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र, तुमका आयकूंक मेळटलें आयज सांजे 7 वरा वीस मिनटांचेर. नमस्कार**